# स्टेमी-गोवा प्रकल्पाचो फाल्या शुभारंभ

ता. 14 डिसेंबर 2018
23 मार्गशीर्ष 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांचे हस्तूकीं ता. 15 डिसेंबर 2018 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर गोंय वैजकीय महाविद्यालयातल्या नव्या ऑडिटोरियम तथा प्रदर्शन हॉलात आयोजित करपात येतल्या कार्यक्रमात एसटी इलेव्हेशन मायोकार्डियल इनफार्क्शन 'स्टॅमी-गोवा प्रोजेक्ट' हया यंत्रणेचो शुभारंभ जातलो.

गोंयच्या भलायकी केंद्रानी टेले-ईसीजी यंत्रणेच्या मदतीन काळजा दुयेंसा वा हार्ट ॲटेक येवपी दुयेंतीचेर बेगोबेग आनी अचूक उपचार करून काळजा दुयेंसाक लागून मरण येवप्यांचो आंकडो कमी करप हो हया कार्यक्रमाचो उद्देश आसा. काळजाचो ॲटेक आयिल्ल्या दुयेंतीची टेले-ईसीजी यंत्रणेवरवीं तपासणी आनी निदान केल्याबरोबर दुयेंतीक कार्डियाक/एएलएस 108 रूग्णवाहिकेतल्यान गोंय वैजकीय महाविद्यालयात हाडटले.

स्टेमी-गोवा प्रोजेक्ट सेवा पेडणे सामाजिक भलायकी केंद्र, साखळी मुळावे भलायकी केंद्र, म्हापशे जिल्हो हॉस्पिटल, वाळपय सामाजिक भलायकी केंद्र, धारबांदोडे मुळावे भलायकी केंद्र, फोंडे उपजिल्हो हॉस्पिटल, कुडचडे मुळावे भलायकी केंद्र, चिकली उपजिल्हो हॉस्पिटल, मडगाव हॉस्पिसिओ हॉस्पिटल, काणकोण सामाजिक भलायकी केंद, हळदोणा मुळावे भलायकी केंद्र आनी पणजी अर्बन हेल्थ सेंटरात उपलब्ध आसतली. गोंय वैजकीय महाविद्यालय हया सेवेचे मुखेल केंद्र आसा.

आयुषमान भारत येवजणेच्या उद्देशाप्रमाण राज्याच्या सगळया वाठारात उत्कृश्ट भलायकी सेवा आनी तंत्रज्ञान पावोवन सगळया लोकांक ताचो फायदो करून दिवप हो स्टेमी-गोवा प्रकल्पाचो उद्देश आसा. आयज गोंय वैजकीय महाविद्यालयात कार्डिओलॉजिस्ट डॉक्टराचो आकडो तीनावयल्यान साताचेर पावला. तशेंच स्टेमी प्रकल्पाखाला निवड केल्ल्या भलायकी केंद्रातल्या डॉक्टरांक आवश्यक प्रशिक्षण दिला. त्याचबरोबर प्रशिक्षित डॉक्टर आनी इएमटी सयत कार्डियाक रूग्णवाहिका उपलब्ध केल्यात. स्टेमी प्रकल्पाखाला दिवपात येवपी वखदां चड प्रभावी आनी सुरक्षित आसात आनी ती सरकार सगळया दुयेंतीक फुकट दितले. हया प्रकल्पाखाला वर्साक सुमार 1500 दुयेंतीचेर उपचार करपाची अपेक्षा आसा आनी काळजाच्या दुयेंसान मरण येवप्यांचो आकडो उणो जाल्लो आमका पळोवक मेळटलो. हॉस्पिटलात रावन कमी दिसाभितर दुयेंत मनीस बरो जावन आपल्या घरा पावतलो आनी सामान्य जीण जगपाक शकतलो हे हया प्रकल्पाचे वैशिश्टय आसा.

राज्यात काळजा आतांक येवपी दुयेंतीचेर बेगोबेग उपचार जावचो हया दृश्टीन सुरू केल्लो हो गोंय सरकारचो म्हत्वाचो प्रकल्प आसा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1814